प्रादेशिक खबरो

29.०७.२०२५ @ ७.20

- नोकरभरती, कुटबन जेटीर साधन सुविधा, बोर्येचो पूल, कंत्राटी कर्मचार्यांक कायम करप अशा खूपशा विशयाचेर आज विधानसभेत चर्चा जाली
- फुडल्या १५ दिसा भीतर खण ब्लॉक- -ई-लिलाव करपा खातीर NIT जारी करतलो अशे मुखेल्मान्त्र्यान म्हणल
- गोंयाक संवसारीक पावंड्यावेले पर्यटन थळ करपा खातीर एप एग्रीगेटराची गरज आसा, अशें येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें.
- राश्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावन पाच वर्सा पुराय जाली

रश्मी 250

मडगांव पालिकेत १३ पदाखातीर फाटल्या ९ म्हयन्यापयली नोकरभरती परीक्षा जाल्ली. मात ह्या पदाचेंर आता भलत्यांकुच घेतल्यात, जाल्यार सुमार १५०० पदाखातंरी अर्ज केल्ले नागरीकांक नोकरी मेळूना तांचेर अन्याय जाला अशे आमदार विजय सरदेसाय हांणी शुन्य वराक सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले. तशेंच ही नोकरभरती सरकारान गोंय कर्मचारी भरती आयोगावरवी करची अशी मागणी केली.

मात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी नगरपालिका भरती कर्मचारी भरती आयोगावरवी करपाक शकना अशी जाप दिली. आमदार संकल्प आमोणकार हांणी चिखलेच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रांन शेनवार आयतार , तशेंच भौशिक सुटेयच्या दिसा दोतोर वा हेर भलायकी कर्मचारी नासतात, हाका लागुन दुयेतींक गरजेचे उपचांर मेळना, थंय दोतोर नेमचे , तशेंच गैरहजर रावपी दोतोरांचेर कारवाय करची अशी मागणी ह्यावेळार केला. Byte संकल्प

आमदार क्रुझ सिल्वा हांणी कुटबण जेटीचेंर नुस्तेमारी हंगाम सुरु जावचे पयली थंय नव्यान बांदिल्ली प्रसाधनघरा चालीक लावची अशी मागणी केल्या. ह्या जेटीचेंर सुमार ३००

बोटीर काम करपी २५०० कर्मचारी आसात, तांका मुतारी सारकी मुळावी सुविधा नाशिल्लयान जेटीचेंर बुरशेपणा जाता, फाटी अशाच परीस्थिती खातीर थंय डेंग्युची साथ पाताळील्ली, जेटी नितळ दवरपाक सराकरान १ ऑगस्टापयली जेटीची नितळसाण तशेंच कामागारांक लागपी मुळाव्यो सुविदा उपलब्ध करुन दिवची अशी मागणी क्रुझ हांणी केल्या.

आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी बोरयेचो पुल सामको मोडुक आयला. ताचेर उबो रावल्यार लेगीत हो पुल हालता हे जणवता, सदच्या येरादारीखातीर ह्या पुलाचो उपेग लोक करतात, ताका लागुन हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी केल्या.

गोंयातल्या वेगवेगळया उच्च् माध्यमिकांनी कंत्राटी पध्दतीचेर काम करपी सुमार १३० लायब्रेरीयनाक सध्या म्हयन्याक फकत १४ हजार पगार मेळटा. ह्या पगारात वाड जावप, तशेंच तांका कायम सेवेत घेवपाविंशी सराकरान निर्णय घेवचो अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला.

रश्मी 80

गोंय सरकार फुडल्या 15 दिसां भितरउत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या आनीक चार खण ब्लॉक--ई-लिलाव करपा खातीर चवथी नोटीस (एन.आय.टी) जारी करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोदसावंत दिली. राज्यांत शाश्वत खणकाम सुरू करपाची सरकाराची मोख आसा. मायनिंग ऑक्टोबर 2025 मेरेन सुरू जातले .आतां मेरेन 12 खण ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले तीन खण ब्लॉक सुरू जाल्यात, जाल्यार फुडल्या दोन म्हयन्यां भितर आनीक दोन खण ब्लॉक सुरू जावपाची शक्यताय आसा अशें आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी गोंयातलो मायनिंग वेवसाय केन्ना मेरेन सुरु जातलो ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दिल्या.

गणेश 100

टॅक्सी ॲप ॲग्रीगेटराचो निर्णय मुखेलमंत्री सगळ्या आमदारांक विस्वासात घेवन घेतलो. सगळ्या आमदारांची बसका घेवन हे विशी निर्णय जातलो. गोंयाक संवसारीक पावंड्यावेले पर्यटन थळ करपा खातीर ॲप ॲग्रीगेटराची गरज आसा, अशें येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें. रेंट ए कॅबविशी ४ ऑगस्टा पयली मुखेलमंत्री बसका घेतले, अशें तांणी सांगलें. सगळ्या १९१ पंचायतीचे वेवहार आनी सेवा पावंड्या पावंड्यान ऑनलायन जातल्यो. अशें पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें. पंचायतीचे सगळे रेकॉर्ड ऑनलायन जातलें. सुर्वेक चिखली बस्तोडा, भाटी, हळर्ण आनी खाजन -पोरस्कडे ह्या पंचायतींचे डिजीटायजेशन जातलें. उपरांत दरेकी म्हयन्यात २५ ते ३० पंचायतींची हातूत भर पडटली. १ ऑगस्टसावन पंचायतींनी एआय आधारीत फेस पंचींगांची पद्दत सुरू जातली.

रश्मी 120

केसरवाल झरीचे उदक दुशित जाला, एक तेपार वखदी म्हण लोक ह्या झरीचेर न्हावपाक वताले, मात आता ह्या उदकान नाल्यार आंगांक खरुज जाता, कुशीक आशिल्लया उद्देगीक आस्थापनाचें घाणयारे उदक, तशेंच टॉयलेटीचे उदक उक्त्यार सोडील्यान उदक जमनिन जिरपाक लागला, ताका लागुन ह्या झरीचे उदक दुशित जाला अशें आमदार निलेश काब्राल हांणी सांगले. आमदार आंन्तानियो वाझ हांणी ह्या झरीचे सौदर्याकरणाचे, नुतनीकरणाचे आनी झरीक पुर्नजिव्वीत काम केन्ना मेरेन पुराय जातलो असो प्रस्न केल्लो. ह्या वेळार फुडल्या तीन म्हयन्याभितर 13 कोटी रुपया खर्च करुन संबंधित कामा करता अशे आस्वासन उदकास्त्रोत खात्याचे मंत्री सुभाशा शिरोडकार हांणी दिले . जाल्यार निलेश काब्राल हांणी नदरके हाडील्लो प्रस्न सुटावो करच्या हेतान गोंय प्रदुशण म्हामंडळाक झरीच्या उदकाचो प्रदुशणाचो अहवाल मागोवन झरीक नितळ कशा पध्दतीन दवरु येता ताचेर काम करता अशी जाप दिली.

रश्मी 170

राश्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावन पाच वर्सा पुराय जाली. ह्या धोरणान शिक्षण मळार बरोच बदल तर घडोवन हाडला मात विद्यार्थ्यांचो फुडार परजळीत करपाक, तशेंच आधुनिकतेच्या काळात तांका सक्षम करुन अभ्यासाची पद्दत आनीक सक्षम केली अशे मत गोंयच्या शिक्षण मळावेल्या मानेस्तांनी तशेंच पालकांनी व्यक्त केला. हे धोरणांची अमलबजावणी खरसाणीन चालीक लागत जाल्यार गोंयच्या शिक्षण पद्दतीन

लेगीत  महत्वाचो बदल जातलो, गुणवत्तेचे शिक्षण दर्जो दिवपाची ताक  रास्ट्रीय शिक्षण धोरणात आसा अशे मत  मानेस्तांनी ह्यावेळार उक्तायला.

राश्ट्रीय धोरणाविंशी विद्यार्थ्यांच्या शिक्षण प्रणालीत कसो बदल हाडला ते विंशी  धारगळ पेडणेच्या  मांगिरीश विद्यालय इंग्लिश हायस्कुलची कार्यकारी मुख्याध्यापक  गौरी रोशन वेर्लेकार हीणे आकाशवाणी पणजी केंद्राकडे  मत  उतक्तायले.

जाल्यार  जयवंत  जोशलकार हे करमळेचे  जिजस अण्ड मेरी शाळेचे  शिक्षक  हांणी राश्ट्रीय शिक्षण   धोरण खरसाणीन चालीक लावपी गोंय हे पयले राज्य थराला अशे म्हणला., ह्या धोरणावरवी फकत  विद्यार्थ्यांचे फकत पुस्तकी शिक्षण जायना जाल्यार ह्या शिक्षणातल्यान विद्यार्थ्यांची बौधिक  आकलन क्षमता वाडटा अशे मत  उक्तायले.

इतले मजगती  अक्षता परब  ह्य यत्ता  6वीत  शिकपी  विद्यार्थ्याच्या आवयन  राश्ट्रीय शिक्षनिक  धोरण हे    भुरग्यामदी  ज्ञानासयत  आत्मविस्वास तयार करपाची ताक आशिल्ले शिक्षण अशे म्हणला.

byte  akshat

रश्मी 40

पेडणेच्या मोपा वाठारात तिळारी प्रकल्पाच्य कामाखातीर आरक्षित केल्ली सुवात  गोंय गुतवनुक  मंडळावरवी  डेल्टा  कंपनीक  हॉस्पिटेलिटी  ववसायाखातीर  कित्याक दिलो.  शेता- भाटाक  लागपी शिपणावलीच्या नदरेतल्यान  तिळारी प्रकल्पाखातीर आरक्षित कल्ली ही  सुवात गरजेची आसा तो हेर  बाबींक  दिवची  न्ही अशे विरोधी  पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणला

रश्मी 30

गोंयांत बनावटी सोरो तयार जाता,आणि  गोंयातल्यान हो सोरो हेर राज्यांनी वता,तशेंच गोंयात  लेगीत  शेजारच्या राज्यातल्यान असो सोरो येता, ही बेकायेदशीरपणा सुरु आसतना गोंयच्या   शीमेचेर   आशिल्ले   पुलिस   तशेचं    अबकारी   अधिकारी   कारवाय कित्याक  करीनात  असो प्रस्न आमदार वेन्झी विएगश हांणी केलो.

महेश 55

संरक्षण मंत्रालयाच्या खाला गोवा शिपयार्ड लिमिटेड कंपनीन आयज 29 जुलयक वास्को-डा-गामा हांगाच्या शिपयार्डांत जाल्ल्या कार्यावळींत "ICGS अटल" (यार्ड 1275) - भारतीय दर्यादेग राखणे खातीर तयार करपाच्या आठ अत्याधुनीक देशी डिझायन केल्ल्या फास्ट गस्त जहाजांच्या  मालिकेतली  सवी - लाँच केली.

Sports 20

अकरावि रेन फोरेस्ट चेलेंज मोटर स्पोर्ट्स सर्त आजसावन सुरु जाता आणि ती 3 ओगस्ट म्हणसर चलतली. गोयच्या सेड्रिक दा सिल्वा आणि बायरन डायस कडे पुराय गोय्काराची नदर आसा

aतापमान 10

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान ३१  डिग्री सेल्सिअस तर किमान २४ डिग्री सेल्सिअस  नोंद जाला.